Panaji

National News

09 Oct 2026,6.30Pm

दिल्ली पोलिसांनी फाल्या जंतर-मंतर हागा सी जे पी (CJP) वरवी प्रस्तावित निदर्शनां खातीर परवानगी न्हयकारल्या. आयज सकाळी नवी दिल्ली हागा प्रसारमाध्यमांकडेन उलयताना दिल्ली पोलिसांच्या सह-आयुक्त नुपूर प्रसाद हाणी सांगला की, जंतर-मंतर हांगा निदर्शना वा हेर कार्यावली आयोजित करपाखातीर परवानगीचो अर्ज किमान १० दिस आधी सादर करप गर्जेचो आसता. सी जे पीक ह्या आधी थय निदर्शना करपाची परवानगी दिल्ली मात , तानी विहित मार्गदर्शक तत्त्वांचे आणि पक्षान दिल्या हमीपत्रांचे पालन करूंक ना अश्ये सह-आयुक्तांनी सांगला. दिल्ली पोलिसांच्या मार्गदर्शक तत्त्वांचे आणि आपल्या हमीपत्रांचे पालन करपान पक्षाक आयीले अपयश, तसेच नवी दिल्ली परिसरातली सध्याची कायदो-सुव्यवस्थेची स्थिती, भोवशिक सुरक्षा आनी येरादारी नेम ह्यो गजाली लक्षात घेऊन परवानगी न्हयकरपाचो निर्णय घेतला.

विदेश वेवार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांनी 'भारतीय परराष्ट्र सेवा दिन २०२६' निमतान भारतीय परराष्ट्र सेवेतल्या सगळया वांगडयाक परबी दिल्या. एका सोशल मीडिया पोस्टत डॉ. जयशंकर हाणी नमूद केला की, भारताची प्राधान्या आनी हितसंबंध जपपाक भागीदारी विकसित करपात आनी 'विकसित भारत' या ध्येयाच्या पूर्ततेत योगदान दिवपान भारतीय मुत्सद्दी महत्त्वाची भूमिका करता. तश्येच तांची निष्ठा आनी व्यावसायिकता जागतिक पावडयार भारताचो आवाज आनी प्रतिष्ठा अधिक उंचाय मेळय्तली अशी आस्त तानी उक्तायल्या.

केंद्रीय भलायकी सचिव पुण्या सलिला श्रीवास्तव हानी आयज सांगला की, देशातल्या सशक्त संशोधन संस्कृतीखातीर डिजिटल भलायकी संसाधना ही खूप महत्त्वाची साधना आसात . नवी दिल्लीत डिजिटल भलायकी संसाधनां विषया वयल्या पाचव्या राष्ट्रीय प्रशिक्षण आनी

परिषदेक त्यो संबोधित करताल्यो. ज्ञान आनी माहितीची उपलब्धता सुलभ करपान आनी वैजकीय शिक्षण, संशोधन तश्येच आरोग्यसेवा वितरणाची बुनियाद घटमूठ करपाक 'नॅशनल मेडिकल लायब्ररी'च्या भूमिकेचेर तानी उजवाड घातलो.

राष्ट्रीय राजधानीन सुरक्षा कारणांक लागून आयज रातीं 9 ते फाल्यां मेरेन 57 मेट्रो स्टेशनां बंद आसतलीं अशी म्हायती दिल्ली मेट्रो रेल्वे म्हामंडळान दिल्या. मजगती आयज दनपारां 2 वरां उपरांत आपल्या मूळ स्टेशनां वयल्यान सुटपी आनी फाल्यां सकाळीं 4 ते दनपारां 2 वरां मजगतीं नवी दिल्ली आनी हजरत निजामुद्दीन रेल्वे स्टेशनांचेर पावपी सगळयो मेल आनी एक्सप्रेस गाडयो रद्द करपाचो निर्णय घेतला.फाल्यां दोनूय रेल्वे स्टेशनां भोंवतणच्या वाठारांनी रस्त्यार येरादारीची खर गर्दी जावपाची शक्यताय आशिल्ल्यान हो निर्णय घेतला अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलें.

सर्वोच्च न्यायालयाची 'बाल न्याय समिती'न युनिसेफच्या जोड्पाल्वान नवी दिल्ली हांगा फाल्या 'बाल न्याय (मुलांची काळजी आणि संरक्षण) कायदा, २०१५' च्या अंमलबजावणीची धा वर्सा पुराय झाल्या निमतान संबंधित घटकां खातीर एका राष्ट्रीय वार्षिक चर्चासत्राचे आयोजन केला. दोन दिस चलपी या कार्यक्रमात कायद्यांखाला साध्य केल्या यशाचो नियाळ घेवप , अंमलबजावणीतली आव्हान वळखप आनी पुढल्या दशकात बाल न्याय आनी बाल संरक्षण व्यवस्था अधिक घटमूठ करपाखातीर प्राधान्यक्रमांन चर्चा करप ह्या खातीर एक व्यासपीठ उपलब्ध करून दितले..

शांतीकाय आनी आंतरराष्ट्रीय कायद्याच्या प्रसाराखातीर दिल्या योगदानाक लागून , भारतीय वंशाच्या दक्षिण आफ्रिकन कायदेतज्ज्ञ नवनेथम 'नवी' पिल्लई हांका आयज नोबेल शांतता पुरस्कार जाहीर जालो. संयुक्त राष्ट्रांच्या मानवाधिकार विभागाच्यो आदले मुखेली आनी आंतरराष्ट्रीय न्यायालयात (ICJ) न्यायाधीश आशिल्यो . पिल्लई हाणी वर्णभेद-विरोधी कार्यकर्त्यांचो बचाव करप तसेच मानवाधिकार आनी समानतेचो पुरस्कार करप, ह्या कामांत तानी आपली कारकीर्द घडयली.

क्रिकेटीन, आयज रांची हांगा  भारत आणि वेस्ट इंडिज पांगडा मधी  पाच सामन्यांच्या टी-२० आंतरराष्ट्रीय मालिकेतलो  दुसरो सामनो  जातलो. हो  सामनो  भारतीय वेळेप्रमाण  सांजे  ७ वरानचेर  सुरू जातलो .पयलो  सामनो  जिंकून भारतान मालिकेत १-० अशी आघाडी घेतल्या. यजमान पांगडाच्या ह्या जैतान  कर्णधार श्रेयस अय्यराच्र्या शतकान महत्त्वाची भूमिका केल्या.

भारतीय  हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन केरळम, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा  गडगड, जोगला  आनी वादळी वारें वांगडाच व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा.. दक्षिण कर्नाटक आनी उत्तराखंड हांगाय व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, कोंकण आनी गोंयांत फाल्यां मेरेन उश्ण आनी दमट हवामान आसतले.